**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं**

ता. 24 डिसेंबर 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक नातलांची उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांच्या शुभ प्रसंगार आमी मनापसून जेजू ख्रिस्ताचो उगडास करतात, जो परमेश्वराचो पवित्र पूत जावन आसा. तांणी आमका शांतीकाय, सहिष्णुताय, क्षमा, मोग आनी भावपणाचो मोलदीक संदेश दिला.

आमच्या देशांत अनेक धर्म आनी भोवसांस्कृतीक समाज आसून लेगीत ह्या देशांत इश्टागत, सामाजीक अखंडताय, परस्पर समजीकाय आनी एकवटान रावपाची आमची कीर्तवंत परंपरा आसा, जाची आमका राष्ट्रीय गौरव आनी सामाजीक-अर्थिक प्रगतीखातीर मदत जाल्या. ह्या प्रसंगार आमी शांतीकायेन जगपाक, भावपणाचें नाते मजबूत करपा खातीर जेजू ख्रिताचो संदेश आचरणात हाडपाक स्वता समर्पित जावया आनी आमच्या मायभूंयेची भरभराट आनी कीर्तिखातीर एकवटान वावर करपाचो आमी सगळ्यांनी संकल्प करूया.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार जेजू ख्रिस्तान गोंयच्या लोकांचेर आपलो आशिर्वाद घालू आनी नातलांची परब सगळ्यांच्या जीणेत शांतीकाय, नवी उमेद आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/810

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji